# <u>सहकारी संस्थां पुरस्कारांखातीर अर्ज मागयल्यात</u>

ता. 25 जुलय 2025

सहकार खात्यान राष्ट्रीय सहकार विकास म्हामंडळान प्रत्येक राज्य/संघप्रदेशां खातीर सुरू केल्या उत्कृश्ट मुळावी सहकारी संस्था आनी एफपीओ सहकारी संस्था पुरस्कार 2025 खातीर अर्ज मागयल्यात.

हे पुरस्कांर पाच गटांत दितात. उत्कृश्ट पतपुरवण सहकारी संस्था, (जे खातीर सगल्यो कृशी पतपुरवण सहकारी संस्थां पात्र आसात), उत्कृश्ट मुळावी सहकारी संस्था, उत्कृश्ट महिला सहकारी संस्था, मुखेल क्षेत्रांतली एक उत्कृश्ट मुळावी सहकारी संस्था, उत्कृश्ट एफपीओ सहकारी संस्था अशा गटांत पुरस्कार दितात.

पयल्या पुरस्काराची रक्कम 35, 000/- रूपया जाल्यार दुसऱ्या पुरस्काराची रक्कम 25,000/- रूपया आसा.

विहित अर्ज/नामांकनां www.coopgoa.gov.in ह्या वेबसायटीचेर आनी सहकारी संस्था निबंधकाचे कार्यालय, सहकार संकुल, पाटो-पणजी तशेंच पणजी, म्हापशें, फोंडें, मडगांव, केपें आनी दिवचलच्या सहाय्यक सहकार निबंधकाच्या कार्यालयांनी उपलब्ध आसात. पुराय भरील्ले अर्ज संबंदीत विभागीय कार्यालयामार्फत 20 ऑगस्ट 2025 सांजेच्या 5.00 वरांमेरेन मेरेन मुखेल कार्यालयाक धाडपाक जाय.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/642

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.